# <u>सर्गेस्त दयानंद बांदोडकरांच्या उगडासाक नमळायेचीं आर्गां</u>

ता. 12 ऑगस्ट 2024

गोंयचे पयले मुख्यमंत्री सर्गेस्त श्री. दयानंद बांदोडकर हांका आयज तांच्या 52व्या पुण्यतिथी दिसा नमळायेचीं आर्गां ओपली. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मिरामार हांगाच्या सर्गेस्त दयानंद बांदोडकर हांच्या समाधीचेर पुष्पांजली ओपली. वीज मंत्री श्री. रामकृष्ण उर्फ सुदीन ढवळीकर, मुख्य सचीव श्री. पुनित कुमार गोयल, प्रधान वित्त सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू, पुलीस म्हासंचालक अलोक कुमार, पुलीस म्हानिरिक्षक श्री. ओमविर सिंग बिष्णोई, प्रधान मुख्य रानपाल श्री. कमल दत्ता, उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी श्रीमती स्नेहा गीते आनी हेर मानेस्तांनीय सर्गेस्त दयानंद बांदोडकरांच्या उगडासाक आर्गां ओपली.

तशेंच उपरांत मुख्यमंत्र्यान पणजेच्या पोरण्या सचिवालयाकडल्या आनी पर्वरीच्या सचिवालय प्रकल्पातल्या सर्गेस्त भाऊसाहेब बांदोडकरांच्या पुतळ्यांक फुलाहांर घालून आर्गां ओपलीं.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/392

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.